# आर्गां

नादायन गॉर्डिमर
अणकार: मु. म. तडकोडकार

*नादायन गॉर्डिमर (जल्म: २० नोव्हेंबर, १९२३) ह्यो दक्षीण आफ्रिकी ज्यू धर्मीय बरोवपी. तांणी चड करून दक्षीण आफ्रिकी देसांतल्या वंशभेदा विशींच्या समस्यांचें निवारण करपाच्या हेतान बरप केलें. तांणी आपणाले साहित्यीक जिणेचो आरंब लघुकथा बरोवन केलो. पूण तांच्या नवलिकांनी तांका मान-सन्मानाचे तेंगशेर पावयल्यो. १९९१त तांकां साहित्याचो नोबॅल पुरस्कार लाबलो. ताच्या योगदाना विशीं आल्फ्रेड नोबॅल हांच्या उतरांनी सांगचें जाल्यार, गॉर्डिमर हांणी मानवतेच्या लाबा पास्वत म्हान सेवा केल्या अशें म्हणूं येता. सकल कोंकणींत अणकारिल्ली नादायन गॉर्डिमर हांची 'आर्गां' (Homage) ही लघुकथा 'लूट आनी हेर लघुकथा' (New York : Farrar, Straus and Giroux, २००३, पानां २५६) ह्या झेल्यांतल्यान वेंचून काडल्या.*

............

शोकीं हांव उलोवंक पावना, म्हजे वोंठ वावात...! म्हजें उलोवप आयकुपा पास्वत म्हजे मुखार तुमी बागूंक सोदतात शें दिसता; पूण हांव उलय ना...

हांव तांकां सोदूंक पाविल्लों जाल्यार हांव तांचे कडेन त्या दुडवांतले येणें-शिलकीचो वांटो मागपाचों, जो म्हाका तांणी सांगिल्लो वावर पुराय करतकच मेळपाचो. पूण ते गेल्यात. ते खंय पावल्यात, हांव नेणों. खंय म्हणून सोदूं? ते हांगसर आसात शें म्हाका दिसना. आतां ते हेर खंयच्याय देशांत आसूं येतात. ते निस्सं निस्सं कसल्या ना कसल्या भानगडींनी आसतात, आनी अशे तरेन वावुरतना तांकां म्हजे सारकेले लोक मेळटातूय बी. शासकांचें आसन उरफाटें जायना फुडें, नाका ते तरेन चाकरी मेळयतकच, आनी पेजय मेळना शी दशा जातकच जेन्ना आमचे सारकेल्यांक घराबो सोडचो पडटा आनी शीम-मेर हुपची पडटा तेन्ना आमचे सारकेल्यांक आनीक एक शीम-मेर बालांडून वचची पडटा. आतां, मुखार कशें किर्ते म्हणपाचेंय नेणों. आमी अशे कपशी की खंयसरूय रावूंक पावतात, थंयसरल्यान आमकां हेर खंय तरी धाडून दियसर, तंबूंच्या एका शिबिरांतल्यान हेर देशांतले अशे एके सुवातेर, जंय चिटीय मेळप कुस्तार; पूण हांव उलय ना...

ते आमकां अश्याच सुवातांनी सोदून काडटात - जंय हांव तांकां गावलों. तांणी म्हाका नश्टांतल्यान वाटायलो. तें किर्तेय करूंक पावतात. तांणी म्हाका कागदां आनी एका नांवा सयत - जें तांणी म्हाका दिलां - हाडलो आनी हांवें म्हजें आदलें नांव भुंयेंत निखिपून उडयलें. आतां कोणूच तें म्हजे भितल्ल्यान केन्नाच खणून काडूंक पावचो ना.

म्हजे कडसून ते किर्ते करून घेवंक सोदतात म्हणपाचें तांणी सांगिल्लें आनी रोखड्या रोखडे अर्दे दुडूय म्हज्या हातार दवरिल्ले. म्हाका खाण आनी न्हेसण मेळ्ळें, तेच परी, एके रावतिर्केत एक कुडूय, जंय खावपा-पिवपाची पुराय वेवस्था आनी जिचे भितर दुडवांचे सुवातेर सोरो आसतालो अशे तिजोरेची एक चावी. तांणी म्हजे पासत साबार गजालींची सिद्धता केल्ली.

ते कितल्याश्या म्हयन्यां सावन अशा एका मनशाचे फाटीक लागिल्ले, जाचे विशीं ते

जाणा आशिल्ले की तो खंयसर वता, खरेपणीं पळयत जाल्यार तो एक खूब म्हत्वाचो मनीस आशिल्लो, पूण शासकी अंगरक्षक घेयनासतना आपणाले घरकान्नी वांगडा कितल्या वगताचेर भायर सरता - कारण ताका आपूण एक सादारण मनीस अशें नाटक करूंक आवडटालें - आपूण एक सामान्य मनीस अशें दाखोवंक तो आंवडेतालो. ते हेंय जाणा आशिल्ले की हें अशें दाखोवप असंभव म्हणपाचें ताका कळनाशिल्लें आनी ह्याच कारणाक लागून, हें काम करपा पास्वत, म्हाका दुडू दिवप तांकां शक्य जालें.

हांव कोणूच न्हय. खंयचोच देश ताचे जनगणनेंत म्हजी गणना करिना. जें नांव तांणी म्हाका दिलां, तातूंत आत्मनिश्ठा म्हणटात ती ना. जो वावर केलो तो कोणें करूंक नाशिल्लो.

तो आपणाले घरकान्नीच्या हातांत हात घालून तिका एका रेस्त्रॉंत, जंय तीं निस्सं निस्सं वचत आयल्यांत, थंयसर घेवन गेल्लो. थंयसून तीं बद्द घरा पर्थून येतात म्हणपाचें म्हाका सांगिल्लें. परंत त्या दिसा तीं चित्रपट पळोवंक गेलीं. हांव रावतालों तांकां. हांवें एका बारांत बियर घेतली. जालें. उपरांत हांव परतलों. चित्रपट पळोवन येतल्यांनी, ते ताका वळखतात म्हणपाचें सांगूंक ना, कारण ह्या देशांतल्या लोकांक फुडाऱ्यांनी सामान्य मनीस म्हूण रावचें अशें म्हणूंक मानवता.

तो आपणाले घरकान्नीक घेवन सामान्य नागरिकां वरी त्या कोनशांतले वाटेन गेलो, जी भुमिगत रेलगाडयेचे गेटी कडेन वता आनी तो आपणाले घरकान्नीक मुखार वचूंक दिवपा पास्वत फाटल्यान रावलो मात, हांवें म्हजो वावर पुराय केलो, जो करपा पास्वत तांणी म्हजे तीर मोखपाचे तांकीची परिक्षा घेतिल्ली आनी म्हाका दुडू दिल्लो... जुस्त माथ्याचे फाटल्यान. तो पडना फुडें हांव धांव मारूंक धुंवलों, एक वावर पुराय करपा पास्वत, जो करूंक म्हाका तांणी दुडू दिल्लो, खात्री करपा पास्वत.

ताचे घरकान्नीन, हें काम कोणें केलें हें माथें वयर करून पळोवचे आदींच, ताचे कुशीक दिमयेर कोंसळत वचपाची चूक केली. प्रहरींक, नेमाळ्यांक आनी हे घडणुकेची खोलाय मेजप्यांक ती इतलेंच सांगूंक पावली की तिणें गाड रंगाचें न्हेशिल्लो आनी चामड्याची हातकापी ज्युदी घाल्लो एक दादलो कुशींतले एके पायणींत देंवपी निसणी वेल्यान दांगो घालीत वयले वटेन वतना पळयिल्लो. हें नगर तर उब्या तेंगश्यांचें आनी काळख्या पायणींचें.

...इतल्या वर्सां उपरांतूय ती लोकांक हेंच सांगता, म्हळ्यार हांवें जें नेमाळ्यांनी वाचलां तशें, की तिणें मुखामळ पळोवंक नाशिल्लें. कांय खिणां आदीं तिणें दिश्ट उखलून पळयिल्ली जाल्यार, देवा रे, ती मुखामळय पळोवंक पावपाची! हांवें तोपीय घाल्ली, जी हांवें उपरांत तिचे भितर फातर भरून ती व्हाळांत शेंवटून दिल्ली. चामड्याची हातकापी ज्युदी भोवच म्हारग आशिल्ली देखून ती मात हेर तरेन रंगोवन घेतिल्ली.

...प्रहरींनी धुंवळीचे पदार्थ विकपी एकल्याक धरलो, जो ते निसणीच्या वयल्या पोंताक धरून उबो आशिल्लो. तो थंय आशिल्लो काय ना तें ती सांगूंक पावली ना, कारण तसो उगडास करपा पास्वत मुखामळाचो उगडास जाय आशिल्लो. तशेंच, जांची प्रहरींनी थांबणी केल्ली आनी जांचेर आपराधीक नोंदी आशिल्ल्यो, तेय कांयच उलोवंक पावले नात. शेकीं म्हाका भिरांत धरपाचें प्रयोजनच नाशिल्लें, जें म्हाका एका देशांतल्यान हेर देशांनी धुकलतना आसतालें, सतायतालें... कसलींच कागदां नाशिल्ल्यान उप्रासपी भिरांत, भुकेची भिरांत... पूण हांव उलय ना...

सोदपूस सोंपना. प्रहरी, आनी हो आक्खो देस सोदपूस करपांत गुल्ल जाता. हांव सांगूंक शकतां, हें कोणें केलें. पूण कित्याक, हें सांगूंक पावचों ना. शेकीं तांणी म्हाका अग्रीम दुडू दिलो, तेदेवेळार एकतर तांणी म्हाका तें सांगूंक ना, आनी हांवेंय विचारूंक ना. विचारूं तरी कित्याक म्हूण? खंयचो शासक म्हाका शरण घेतलो? तोच असो लोक, जांणी म्हाका कसली तरी सागवाद दिल्ली.

पूण तांणी जितली भास दिल्ली तिच्या अर्दानूच मेळ्ळें आनी आतां पांच वर्सां उपरांत तातूंतलेंय कांयच उरूंक ना. हांवें यदा-कदा कांय वावर केलो. जाचे वरवीं लोकांक चिंतूंक संद मेळूंक ना की हो आपणाले कुडीचें भाडें कसो दिता, वो बिअर कसो पिता म्हूण. हांवें अशे सुवातेर वावर केला जंय शासकी श्रम विभागा वरवीं नांवाची नोंदणी करचेली गरज उप्रासना - नायट क्लबांनी, घोड्यांच्या सर्तींनी.

शेकीं म्हाका भरपूर दुडू मेळिल्लो जाल्यारूय हांव खंय म्हूण वतलों आशिल्लों? जेन्ना हांव हेर देशांनी वचपाचें चिंतूंक सोदतां, जशें तांणी केलें, शिमेर आपणालीं मुखामळां दाखयलीं आनी ते व्यक्ती विशींचीं कागदां दाखयलीं, नांव सांगलें, जें तांणी म्हाका दिल्लें... पूण हांव उलोवंक सोदिना.

हांव कोणाचेच घोळटिकेंत ना. खंयचेच अस्तुरे कडेनय ना. म्हाका किर्तेय तरी करपाचे प्रस्ताव मेळटात, देखीक चोरयेच्यो वस्ती पावोवपाचो. धुंवळी वखदांच्याच धंद्यांतलो लोक, देव जाणा, म्हजो कसो वास काडटात, हांवें म्हाका उपलब्ध दवरिल्लो आसा म्हूण. परंत हांव उपलब्ध ना.

ह्या नगरान म्हजें मुखामळ पळोवंक ना. ते ताका स्मशानभुयेंत व्हरपाचे नात म्हूण हांवें वाचलें तेन्ना म्हाका व्हड थटाकणी जाली! तांणी ताका ते इगर्जे मुखार आशिल्ल्या सुपुल्ल्या भौशीक उदयानांत भुंयेभरवण केलो, त्या भुमिगत रेल स्टेशनाचे कुशीकूच आशिल्ल्या उदयानांत.

ताच्या थड्याचेर एक कोरांतिल्लो फातर बसयला आनी ताका सकयल सुपुल्लो एक आडो. लोक ताच्या थड्या म्हऱ्यांत येतात. कांय खीण मोनेळ पाळटात. फुलां पातळावन घालतात. आनी कांय फावटीं कागदांचे कुडकेय, जांचेर चड करून, कवितांच्यो वळी बरयिल्ल्यो आसतात (हांव ती भास बेस बरे तरेन वाचूंक पावना).

हांव जाणां, सोदपूस आजुनूय चलता आनी ती त्या खिणा मेरेन सोंपची ना जे मेरेन तांकां तें मुखामळ गावना. आतां हांव तेंच करतां, जें साबार जाण करीत आयल्यात. होच सुगूर उरपाचो उपाय. पुराय, आनी सुरक्षीत. हांव सवाय भितर गडगड असो गुलाब-फुलांचो झेलो विकतो घेतां, आनी दवरतां त्या कोरांतिल्ल्या फातराचेर, त्या सुपुल्ल्या आड्याचे फाटल्यान, जंय म्हजें नांवूय ताचे वांगडा भुंयेभरवण जालां...

(संपर्क: ०८३२-२४२३५७७)